# उदकांस्त्रोत खात्याच्या अधिकाऱ्यांखातीर परिसंवाद जालो

ता. 15 जुलय 2020

उदकांस्त्रोत खात्याच्या वरिश्ट अधिकाऱ्यांखातीर हालीच एका दिसाचो परिसंवाद/दिशानिदेशन कार्यक्रम जालो. खासा अधिकारी आनी समाज शास्त्रज्ञ डॉ. प्रतिभा हांणी अधिकाऱ्यांक मार्गदर्शन केले. परिसंवादाच्या समारोप कार्यक्रमाक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत उपस्थित आशिल्ले.

उदकांस्त्रोतां बाबतीत संबंदीत अभियंत्यांक भरपूर अणभव आनी ज्ञान आसून तांणी राज्यांत उदका सुरक्षेखातीर प्रयत्न करपाक जाय. येणाऱ्या काळातली उदकाची गरज पुर्ण करपा खातीर योग्य नियोजन करून नवीन प्रकल्प हातांत घेवपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ह्या वेळार उलयताना सांगले.

आयज देश आनी राज्यामूखार आर्थिक प्रस्न आसून खात्यान महसूल वाडोवपा खातीर प्रयत्न करपाक जाय. तशेंच अणभवी अधिकाऱ्यांनी आपल्या ज्ञानाची देवाणघेवाण करपाक जाय, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

डॉ. प्रतिभा हांणी आपल्या व्याख्यानांत अधिकाऱ्यांनी आपले काम करतना सामान्य लोकांच्या गरजांक प्राधान्य दिवपाची गरज उक्तायली. खंयचोय प्रकल्प हातांत घेतना लोकांचो सहभाग म्हत्वाचो आसता आनी त्या प्रकल्पाचो फायदोय सामान्य लोकांक मेळपाक जाय. अधिकाऱ्यांनी प्रकल्पाच्या कामाचो नेमान नियाळ घेवपाक जाय, अशेंय तांणी सांगले.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/391

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA